# समाज कल्याण मंत्र्याहस्तुकीं  माटोळी बाजाराचे उक्तावण

ता. 4  सप्टेंबर 2024

समाज कल्याण मंत्री श्री.  सुभाष फळदेसाय हांणी आयज केपे हांगा अटल ग्राम विकास एजन्सी आनी नवी दिशा क्लस्टर ट्रस्ट फांवडेशन हांणी आयोजीत केल्ल्या वर्सुकीं माटोळी बाजाराचे केपेचे आमदार श्री.  एल्टन डिकॉस्ता हांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले. माटोळी बाजारात केपे तालुक्यातले आप मजत गट आनी शेतकारांनी माटोळीचे सामान विकपाक दवरला.

ह्या वेळार उलयतना फळदेसाय हांणी गोंयच्या बायलांमदी वेपार-वेवसाय करपाची तांक आनी कुशळटाय आसून तांकां प्रोत्साहन दिवपा खातीर माटोळी बाजारा सारख्या माध्यमातल्यान प्लॅटफॉर्म उपलब्ध करून दिवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगलें.  आपरोजगार सुरू करपाक सोदपी बायलांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर सरकार विंगड विंगड येवजणांची अंमलबजावणी करता.  पारंपरीक कला आनी कारिगरीक प्रोत्साहन  दिवपा खातीर सरकार सांगे हांगा कुणबी गांव प्रकल्पाची उबारणी करता,  अशेंय तांणी सांगलें.

गोंय सरकार आयज ग्रामोदय,  सर्वोदय आनी अत्योदय तत्वाचेर काम करता,  जेणे करून आत्मनिर्भर भारत,  स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रम यसस्वी करपात मजत जातली,  अशेंय तांणी सांगलें.

आमदार श्री.  एल्टन डिकॉस्ता हांणी माटोळी बाजारा सारख्या माध्यमातल्यान बायलांक आत्मनिर्भर जावपाक मजत जातली,  अशें सांगलें.

दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायत अध्यक्ष श्रीमती संजना वेळीप,  अटल ग्राम अध्यक्ष शशिकांत गांवकर हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

म्हा /सप/    / विगां/ 2024/473

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.